CS(M) EXAM2012

G-DTN-M-LPLB

# KONKANI

## Paper II

## (Literature)

*Time Allowed : Three Hours* | *Maximum Marks : 300*

---

*INSTRUCTIONS*

***Candidates should attempt questions no. 1 and 5 which are compulsory, and any THREE of the remaining questions, selecting at least ONE question from each Section.***

***All questions carry equal marks.***

***Answers must be written in Konkani.***

*IMPORTANT : Whenever a question is being attempted, all its parts/sub-parts must be attempted contiguously. This means that before moving on to the next question to be attempted, candidates must finish attempting all parts/sub-parts of the previous question attempted. This is to be strictly followed.*

***Pages left blank in the answer-book are to be clearly struck out in ink. Any answers that follow pages left blank may not be given credit.***

## SECTION A

1. सकयल दिल्ल्या उताऱ्यांची संदर्भासयत फोडणिशी करात. दर अेकाची जाप 150 उतरां भितर मर्यादीत आसची. *12×5=60*

(i) "मोयझेची बेतकारी तूं गे,
बळ क्रिस्तांवांचें,
तें शार अिबाडलेंय तुवें
फाराव्या रायाचें.

(ii) "ये, केण्या राशी मज्या पुत्रा ! ये मुग्तिच्या
निधी-भांडारा ! ये भोडुव्यांच्या आनंदा उलासा !
ये सर्वय सगुणा, वा स्वरूपाच्या आरुश्या !
तुजे येणें ह्या संवसारांतु सुफळ हौं,
तुजे विण हो संवसारू सर्व प्रकारिं हारपललो,
तुजें वरौन, ह्या संवसाराक उपाव जायत,
तूं देवा बा मनुश्यां भितरी स्वस्त रचलोशि,
तुज्या जल्मा, येण्या प्रसंगि संवसारिचे
मनुश्य मुग्ति पावती."

(iii) "तुमकां गोंयकारांक आनी इंदियानाक आपले भाशेचो मोग ना, आपले संस्कृतायेची बडाय ना. जीं उतरां तुमच्याच गोंयकार पुतान पुर्तुगेजांक सांगलीं तीं तुमी विसरल्यात : 'हांव महाभारताच्या गांवांत जल्मलों, आमी शुन्य रचलां आनी गामां उत्पन्न केल्यां. तुमी तुमचें व्हडपण विसरल्यात.''

(iv) "विसाव्या शेंकड्यातलें आठवें दसक हें कोंकणीच्या इतिहासांतलें एक पर्जळीत दसक म्हणचें पडटलें. ह्या दसकांत भारतीय भयण भासांचे पंगतीक कोंकणीक तिच्या हक्काचो पाट मेकळो आनी ते वरवीं तिचे मानेभोंवतणीं घुसपल्लो वादाचो विळखो सदांखातीर सुटलो.

(v) '...ती भुरगेपणांतली खबर म्हजें फुडें हाडूं नाका, ना तर सांगीच नाका. तेन्ना हांव वादळांतलो आनी वाऱ्यांतलो मनीस आसलो. तापतालों आनी तिडतालों. आतां म्हजें शांती-मांय भशेन शांत जाला...'

2. सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो दियात. दर एकाची जाप 250 उतरां भितर बरयात. *20×3=60*

(i) व्हि.जे.पी. सालदान्या हांचे 'देवाचे कृपेन' हे कादंबरेंतले वास्तव दर्शन स्पश्ट करात.

(ii) कादंबिनी पुस्तकातल्यान कोंकणी गद्य विशीं व्यक्त जाल्ले विचार विस्तारान बरयात.

(iii) पुर्तुगेझ मिशनऱ्यांनी कोंकणी भाशेक कशे तरेन समृद्ध केली ? देखी दिवन स्पश्ट करात.

3. सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरयात. दर एकाची जाप 200 उतरां भितर बरयात. *15×4=60*

(i) कोंकणी भाशेचे शिल्पकार वामन रघुनाथ शणै वर्दे वालावलीकार कोंकणी भाशेचो विकास साहित्यीक रूपान कसो करता ?

(ii) 'सांत आंतोनिचीं अचर्या' हाची निवेदन शैली विशीं बरयात.

(iii) 'वनवाळयांचो मळो' ग्रंथात येवरोपी क्रिस्ती संकल्पना भारतीय संस्कृतायेत बसोवपाचो यत्न कशे तरेन केल्या हाची देखी दियात.

(iv) तीन दसकांतलो कोंकणी कथेचो इतिहास विस्तारान बरयात.

4. सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो 200 उतरां भितर बरयात. *15×4=60*

(i) श्याम वेरेंकाराची निबंद शैली, खंयच्याय दोन निबंद संदर्भांत बरयात.

(ii) लोकवेद आनी लोकनाट्य एक दुसऱ्या वांगडा जुळिल्ले आसता, हाचे विशीं जयंती नायक कितें बरयता ?

(iii) वादळ आनी वारें माथाळो स्पश्ट करात.

(iv) देमांद नाटकान कोंकणी रंगमाची समृद्ध केली हे ताच्या आशयाक धरून बरयात.

## SECTION B

**5.** सकयल दिल्ल्या उताऱ्यांची संदर्भासयत फोडणिशी करात. दर एकाची जाप 150 उतरां भितर मर्यादीत आसची. *12×5=60*

(i) ताचें फळ खेलें तर, मनशाक नासलें
न्हूंयच मर्न, बगर मातार पिराय लेगून :
सदांकाळ तरणेपण वसचें आसलें.

(ii) 'तुज्या सब्दा मुकार् म्हजो जीव् सयत् एक् कोयर
पूण हें काळीज म्हजें, मोव रक्ता-मासाचें
म्हज्या बाळाक् कात्रूक् फातर् करुं कशें ?

(iii) आमी कांय घडलें ना
आमी कांय मोडलें ना
बंदखणीच्यो सरयो थोड्यो
बागयल्यो,
जिविताच्यो कळयो थोड्यो
जागयल्यो.

(iv) तुजे सूर
लय ब्रम्हाक
फुटिल्लो
चंवर
पर्मळ ताजो
मन भरुन
म्हजे मोनेळींत
हांव
रुजून फकटां...

(v) 'हांव कपडे सुकोवपाची दोरी...' ह्या काव्याचो आशय स्पश्ट बरयात तशेंच रचणाऱ्याचे सूक्ष्म संवेदन विवेचीत करात.

**6.** सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरयात. दर एकाची जाप 250 उतरां भितर बरयात. *20×3=60*

(i) 'आम्रांवाचे यज्ञदान' हातूत नाटकीय शैली सुंदरसाण हाड्टा वांगडाच बाळविश्वाचे मानस स्पश्ट करता हाचेर तुमचे विचार मांडात.

(ii) र. वि. पंडीत आपल्या आशयात मोगाचे विश्व कशें चितारतात हे देखी दिवन स्पश्ट करात.

(iii) प्रो. एदुआर्दु ब्रून द सौज अस्तुरेच्या अस्तित्वाची तुळ कशे रितीन करता ?

**7.** सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरयात. दर एकाची जाप 200 उतरां भितर आसची. *15×4=60*

(i) 'जिविताचे देगेवेल्यान
मर्णाचो देस
कसो दिसत...' ही कविता शैलीच्या संदर्भात विवेचीत करात.

(ii) जायो जुयो काव्य संग्रहातली कविता ल्हान दिसता पूण जीवनाचे रहस्य भरता. ह्या संदर्भान विश्लेशण करात.

(iii) कर्णाटकातली कोंकणी कविता, कोंकणीच्या इतिहासांत नवीन संवेदन घेवन येता. हाचेर भासा भास करात.

(iv) 'भुजवण' कवितेतले हास्य आनी ताची सामाजीक वक्रताय विशीं बरयात.

**8.** सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरयात. दर एकाची जाप 200 उतरां भितर आसची. *15×4=60*

(i) 'थमन' काव्य संग्रहातली फकत 'मोग' विशय कविता विशीं विस्तारान बरयात.

(ii) पांडुरंग भांगी चे काव्य विश्व गूढ चिंतन घेवन येता हाचेर आपलें विचार बरयात.

(iii) कोंकणी कवितेचो प्रवास आनी 'रत्नाहार' चे स्थान स्पश्ट करात.

(iv) गोड्डे रामायणाची लोकशैलीचे खाशेलेंपण विशीं बरयात.